०८-१२-२०२५

सकाळी - ७.२५

प्रादेशिक खबरो

<u>हडफडे उजो- सी एम</u>

हडफडे बर्च बाय रोमियो लेन ह्या क्लबात घडिल्ल्या उजाच्या घडणूकेक जापसालदार आशिल्ल्या अधिका-यांचेर शिस्तभंगाची कारवाय जातली, अशी म्हायती मुखेलमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी काल घेतील्ल्या पत्रकार परिशदेत दिल्या. क्लबाक दिल्या तरेकवार परवान्या प्रकरणी सरकारान दोन अधिकाऱ्यां सयत तेन्नाच्या पंचायत सचिवांक निलंबित केल्या.प्रदूशण नियंत्रण मंडळाच्यो तेन्नाच्यो वांगडी सचीव डॉ. शमिला मोंतेरो, पंचायत संचालक सिद्धी हळर्णकार आनी हडफडे - नागवा पंचायतीचे सचीव रघुवीर बागकार हांका निलंबित केल्या. उजो लागिल्या क्लबाक मान्यताय दिवपा सयत घडणुकेक जापसालदार आशिल्ल्या अधिकाऱ्यांचेर शिस्तभंगाची कारवाय जातली, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी पत्रकार परिशदेंत स्पश्ट केले. इतले मजगती उज्यात मरण आयिल्ल्या सगळ्या मृतांची वळख पटल्या. 17 जाणांचे पोस्ट मॉर्टेम पुराय जावन 5 जाणांच्यो कुडी कुटुंबीयांच्या स्वाधीन केल्या. ह्या घडणूकेत मरण आयिल्ल्यांच्या कुटुंबियांक राज्य सरकारावतीन दरेकी ५ लाख रुपया जाल्यार जखमींक ५० हजारांची अर्थिकमजत दितले. क्लब आनी हेर संबंदीतांक एडव्हायजरी जारी करतले, अशेंय मुखेलमंत्र्यांनी सांगले. क्लब तशेच संबंदीत आस्थापनांचे ऑडिट जातले आनी महसूल सचिवांच्या हाताखाला समिती स्थापन करतले, अशेंय तांणी सांगले. ह्या घडणूकेतल्या दोशींचेर कारवाय करपाचो आदेश डिजीपीक दिला. तशेंच एका सप्तकाभीतर ह्या घडणूकेची चौकशी अहवाल सादर करपाचे निर्देश उत्तर गोंय दंडाधिका-यांक दिल्ल्याची म्हायतीय मुखेलमंत्र्यांनी दिल्या. हे वेळार मुखार उलयताना तांणी सांगले....

इतले मजगती क्लबाचे सरवेवस्थापक राजीव मोडक, वेवस्थापक विवेक सिंग राजीव सिंघानीया आनी प्रियांशु ठाकूर हांका अटके केल्या. मालक सौरभ लुथरा, गौरव लुथरा हांचो सोद घेवपाखातीर गोंय पुलिस दिल्लीक रवाना जाल्यात. तांच्या आड गुन्यांव नोंद केला अशी म्हायती पोलिस म्हासंचालक अलोक कुमार हांणी दिल्या.

100 रोहन खंवटे

इंडीगोची विमाना रद्द जाल्ल्यान एअर इंडीया, अकासा ह्या हेर विमानांची तिकीट दर बेसुमार वाडल्या. हाचो फटको पर्यटकां सयत सामान्य गोंयकारांक लेगीत बसला, अशें पर्यटनमंत्री रोहन खंवटे हांणी म्हणला.नवे वर्स लागी पाविल्ल्यान राज्याचो पर्यटन हंगाम टेंगशेर पावला. फेस्ता उपरांत पर्यटक मोठे प्रमाणात येवपाक सुरवात जाता. इंडिगोची विमाना आचकीत रद्द जाली. हाका लागून गोंयांत येवपी पर्यटन मुंबय, दिल्ली शिरकोन उरले. तशेच हेर विमान कंपन्यांचे तिकीट दर वाडले. हाका लागून्य गोंयांत येपव बरेच म्हारग जाले, अशें पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी सांगलें.

SIR interview

गोंय विद्यापिठाचे कॅम्पस ॲम्बेसेडर श्री ओम बांदोडकार हांणी एस आय आर 2026 विशीं आपलो दृष्टिकोन मांडलो, आनी जागरूकतेचे महत्त्व अधोरेखित केले. आयकुया ताची झलक...

हवामान -

गोंय वेदशाळेन दिल्ले म्हायती प्रमाण पणजे चडानचड तापमान ३३ डिग्री सेल्सियस आनी उण्यात उणे तापमान २१.८ डिग्री सेल्सियस नोंद जाला. मुरगावा चडानचड तापमान ३३ डिग्री सेल्सियस आनी उण्यात उणे तापमान २२ डिग्री सेल्सियस नोंद जाला. फुडले कांय दिस राज्यात वातावरण सुके आसतले अशेंय गोंय वेदशाळेन कळीत केला.

क्रिकेट

ओडिशातल्या भुवनेश्वर हांगा जाल्ल्या राश्ट्रीय मुखेलमंत्री दिव्यांग व्हिलचेअर क्रिकेट सर्तीचे वस्तादपण गोंयच्या पंगडाक मेळ्ळा. सर्तीच्या निमणे फेरयेत गोंयच्या व्हिलचेअर पंगडान छत्तीसगडाच्या पंगडाचो ५ गड्यांनी पराभव केलो.